**राष्ट्रीय चक्रीवादळ धोको शमवणूक प्रकल्पाखाला पणजी शाराची निवड**

ता. 6 नोव्हेंबर 2020

हुंवार, पूर, चक्रीवादळ, भूंय घसरण, गडगड आनी वीजेच्या झगलाटासयत वादळ आनी पावस, उश्ण वारे, दुश्काळ अशां उदका आपत्ती आनी धोक्यांपासून दर्या वाठारांतल्या शारांक संरक्षण दिवपा खातीरच्या उपायांनी वाड आनी सुदारणा करपा खातीर राष्ट्रीय चक्रीवादळ धोको शमवणूक प्रकल्पाच्या दुसऱ्या टप्प्याखाला निवड जाल्ल्या स दर्या वाठारांतल्या शारांमदीं गोंयच्या पणजी शाराची निवड जाल्ल्याची म्हायती उदकास्त्रोत खात्यान दिल्या. ह्या प्रकल्पाखाला निवड जाल्ल्या हेर शारांमदीं केरळ राज्यांतले कोची, कर्नाटकातले मंगळूर, महाराष्ट्रातले रत्नागिरी, गुजरातचे पोरबंदर आनी अस्तंत बंगालच्या बिधाननगर शाराचो आस्पाव आसा. ह्या प्रकल्पा खाला पणजी शारांत उदका आपत्ती धोक्यांआड कृती आराखडो तयार करून उपायांनी सुदारणा करपाची येवजण आसा.

एनडीएमए हांणी चालीक लायिल्ल्या ह्या नियोजीत प्रकल्पाक जागतीक बँकेन निधी दिला आनी तो कंसल्टण्ट रॉयल हॅस्कॉनिंग डीएचव्ही हांणी जेव्ही पार्टनर तरू लिडिंग एज हांच्या सहकार्यान विकसीत करपात येतलो. पणजी शारांत हुंवार, पूर, चक्रीवादळ, भूंय घसरण, गडगड आनी वीजेच्या झगलाटासयत वादळ आनी पावस, उश्ण वारे, दुश्काळ अशां उदका आपत्ती आनी धोक्यांआड उपायांनी वाड आनी सुदारणा करपा खातीर कृती आराखडो करप हो प्रकल्पाचो उद्देश आसा. शारांतली सध्याची आनी फुडली परिस्थिती आनी हवामान बदल परिणामांचो अभ्यास करून आराखडो तयार करपात येतलो.

उदका आपत्ती धोको प्रतिबंद आराखडो तयार करतना शारांतल्या सामाजीक, आर्थिक, पर्यावरण आनी साधनसुविधांचो विचार जातलो. तशेंच वेगवेगळी यंत्रणां आनी संघटनाकडल्यान सल्लो घेवपात येतलो. ह्या प्रक्रियेची सुरवात म्हुण 4 नोव्हेंबराक उदकास्त्रोत खात्याच्या सचिवान संबंदीतांखातीर व्हर्च्युअल कार्यशाळा घेतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/653

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji

Ph No: 0832-2422675/ 0832-2226047/ 0832-2426168
Fax: 0832-2224211